**Panaji national 3.3.25 at 6.30pm**

मोदी 160

आशियाई शींवांच्या अधिवासाचे जतन करपाक आदिवासी समाज आनी बायलांच्या भूमिकेचे आनी देखून आशियाई सिंहांच्या संख्येत सातत्यान वाढ जावपा खातीर गिर रानतल्या लोकांच्या सामूहिक प्रयत्नांचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तोखणाय केल्या. संवसारीक वन्यजीव संवर्धन दिसा निमतान आयज जूनागढ जिल्हयांतल्या सासान गिर हांगा भूपेंद्र यादव हांच्या अध्यक्षते खाला राष्ट्रीय वन्यजीव मंडळा **NBWL**ची  सातवी बसका प्रधानमंत्री हांणी अध्यक्षपदा खाला घेतली. हे बसकेंत पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव, वेगवेगळ्या राज्यांतले वांगडी, ह्या मळार वावुरपी एनजीओचे प्रतिनिधी, मुखेल वन्यजीव वार्डन आनी वेगवेगळ्या राज्यांतले सचीव हांणी वांटो घेतिल्लो. वन्यजीव संवर्धन आनी वेवस्थापन संबंदीत वेगवेगळ्या विशयांचेर मंडळ बसकेंत चर्चा जाली. प्रधानमंत्री मोदींच्या अध्यक्षाखाला आशिल्लें हें मंडळ रानवटी जनावर आनी रानांचे संवर्धन आनी उदरगतीक चालना दिवपा खातीर वावुरता.

आकाशवाणीच्या प्रतिनिधीन दिल्या अहवाला प्रमाण हे बसके वेळार प्रधानमंत्र्यान जूनागढांतल्या राष्ट्रीय वन्यजीव संदर्भ केंद्राची बुन्याद घाली. प्रधानमंत्र्यान सोळाव्या आशियाई शींव लोकसंख्येचो अदमास **2025** चें अनावरण केलें आनी कोइम्बतूरांत मानव-वन्यजीव संघर्ष व्यवस्थापन केंद्राचे उक्तावण केलें. बसके आदीं प्रधानमंत्री गिर

नॅशनल पार्कांत जंगल सफारी करपाक गेले आनी गिरांतल्या सिंग सदन कॅम्पसांत वृक्षारोपणातय वांटो घेतलो.

निती 110

फाटल्या वर्साच्या तुळेंत बायलां मदीं अर्थीक जागृताय बेचाळीस टक्क्यांनी वाडल्या. निती आयोगान आयज नवी दिल्लींत सुरू केल्ल्या "रिणकारां पासून बांधकाम व्यावसायिकां मेरेन बायलांची भुमिका: भारतांतल्या अर्थीक उदरगतीची कथा" ह्या अहवालांत हें सांगलां. अहवाला प्रमाण फाटल्या वर्सा डिसेंबर मेरेन सुमार 2.7 कोटी बायलो आपल्या रिणाचे चे निरीक्षण करताल्यो. अहवाल जाहीर करतना नीती आयोगाचे सीईओ बी.व्ही.आर. सुब्रह्मण्यम हांणी बायल उद्देजकांक सशक्त करपाक वित्तपुरवठ्याची म्हत्वाची भुमिका उक्तायली. स्वयं-निरीक्षण बेसात बायलांचो वट्ट वांटो फाटल्या वर्सा डिसेंबरांत एकुणीस पूज्य त्रेचाळीस टक्क्यांनी वाडला, तो 2023 वर्सा सतरा पूज्य एकूण नव्वद आशीलो अशें अहवालांतल्यान दिसून येता. बिगर महानगरां परस महानगरांत चड बायलो आपल्या रिणाचे सक्रियपणान स्वयं-निरीक्षण करतात, महानगरांत अ▯ेचाळीस टक्के आनी बिगर महानगरांत 30 टक्के वाड जाल्या अशें तातूंत नदरेक हाडलां.

मेघवाल 170

देशांतल्या बायलांचो सन्मान आनी सुरक्षेची राखण करपा खातीर सरकारान भारतीय कायद्यांत दुरुस्ती केल्या अशें कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी सांगलां. कृत्रिम बुद्धिमत्ता (एआय) च्या वैशिष्ट्यांक लागून बायलां आड जायते गुन्यांव वाडल्यात, पूण ताचेर कारवाय करपाक सरकार जायतीं व्हड पावलां उबारता अशें तांणी फुडें सांगलें. मेघवाल हांणी आयज नवी दिल्लींतल्या विज्ञान भवनांत बायलां संबंदीत सायबर कायदे आनी सायबर जागृताय कार्यावळी विशीं कार्यशाळेंत उलोवप केले. सायबर कार्यावळी वेळार बायलांक सादूर रावचें आनी खंयचीय घडणूक घडल्यार बेगोबेग कागाळ नोंद करची  अशें आवाहन मंत्री मेघवाल हांणी केलां. राष्ट्रीय महिला आयोगा (एनसीडब्ल्यू) न आयोजीत केल्ल्या हे कार्यशाळेंत बायलां खातीर सायबर कायदे घटमूट करपा खातीर दोनशें वयर मुखेल सुदारणां विशीं चर्चा करपाचो हेतू आसा.

डिजिटल जग मनशाच्या जिवितांत खोलायेन रुजला म्हणून बायलांची ऑनलायन सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करप पयलीं परस चड म्हत्वाचें अशें एनसीडब्ल्यू अध्यक्ष विजया रहाटकर हांणी उलयताना  सांगलें. कलंक म्हण वा कायदेशीर संरक्षण नाशिल्ल्यान जायत्यो बायलो मौन राखून सायबर गुन्यांवांक बळी पडटात अशें तांणी सांगलें. आयोगान आतां मेरेन स प्रादेशिक सल्लागारांतल्यान सगळ्या सायबर कायद्यांचो व्यापक नियाळ घेतला अशें एनसीडब्ल्यू अध्यक्षान अधोरेखित केले

राजनाथ 90

भारत आनी बेल्जियम मदीं आयज भारत-पॅसिफिकांत खास करून दर्या क्षेत्रात संरक्षण गुंतवणूकीच्या शक्यतेर चर्चा केली. केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी  बेल्जियमची राजकन्या एस्ट्रिड आनी संरक्षण मंत्री थियो फ्रँकेन हांचे कडेन नवी दिल्लींत बसका घेतली. हे बसकेंत तांणी दोनूय देशां मदलो संरक्षण-उद्देगीक सहकार्य वाडोवपाचे मार्ग आनी साधनां विशीं चर्चा केली. संरक्षण क्षेत्रांत बेल्जियमान केल्ल्या गुंतवणुकेक राजनाथ सिंग हाणी येवकार दिलो. भारतांत आपलो प्रभाव वाडोवन आनी भारतीय विक्रेत्यांक तांच्या पुरवण साखळींत आस्पावन घेवन बेल्जियम कंपनीं म्हत्वाचो वांटो घेवंक शकता अशें तांणी सुचयलें. तशेंच संस्थात्मक संरक्षण सहकार्य यंत्रणेचा शोध घेवपाक  दोनूय देशांनी सहमती दाखयली

**राजनाथ 130**

**फुडल्या दोन वर्सांत भारत संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जावपाचे वाटेर आसा अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी पुनरोचार केला. भारत आतां संवसारांतली पांचवी व्हड अर्थवेवस्था जाल्या अशें तांणी सांगलें. सशस्त्र सेना ध्वज दिसा निमतान आयज नवी दिल्लींत**

**हांणी देशाचे अर्थीक उदरगतींत भौशीक आनी खाजगी ह्या दोनूय क्षेत्रांची म्हत्वाची भुमिका हाचेर भर दिलो. अर्थीक स्वातंत्र्याचे दिकेन भारताची प्रगती दोनूय क्षेत्रांच्या सहभागाक लागून म्हत्वाची चाल जाल्या अशें तांणी स्वावलंबनाचे महत्त्व अधोरेखित केले. संरक्षण**

उद्देगांत खाजगी क्षेत्राच्या सहभागाच्या गरजेचेर तांणी खासा भर दिलो आनी राश्ट्रीय सुरक्षा मळार स्वयंपूर्णता मेळोवपा खातीर हें म्हत्वाचें अशें सांगलें.